**Panaji Regional 24th August 2025 7.25am**

**RASHMI**

**चवथीच्या दोन दिसा पयली म्हजे घर ह्या येवजणेची म्हायती दियत मुळ गोंयकारांची ह्या ना त्या कारणास्तव बेकायदेशीर उरील्ली घरा कायदेशीर करपाची प्रक्रियेची गोड भेट गोंय सरकारान काल गोंयकारांक दिल्या. घर म्हळ्यार फकत चार वण्टी न्ही , जाल्यार ते त्या घरात रावपी मनशांचे आस्थेचो,तशेंच पिढयान पिढयांच्यो यादी आशिल्ली मायेची वास्तु हे मतीत घेवन सरकारान म्हजे घर ही येवजण चालीक लायल्या अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावत हांणी म्हणला. घरा कायदेशीर करपाच्य प्रक्रियेत कोणेच आडमेळी वा राजकारण हाडचे न्ही, ही गोंयकारांची घरा, सगल्यानी घरा कायदेशीर करपाच्य ह्या प्रक्रियेक तेको दिवचो अशे आवाहन मुखेलमंत्री सावंत हांणी केला. Byte CM**

**जाल्यार घरा कायदेशीर करपाचे अर्ज 15 संप्टेबरासांवन उपलब्ध जातले, सुवातीचे, तशेचं घर नियमित करपाविंशीचे शुल्क बेगीनुच सरकार जाहिर करतले अशी सावंत हांणी काल ऑनलायन माध्यमातल्यान थेट प्रक्षेपणावरवी सादिल्लया संवादतल्यान गोंयकारांक दिल्या**

**सरकारी, कोमूनिदाद सुवातीनी आशिल्ली घरां,20 पोईंन्ट प्रोग्रामावरवी बांदीललि घरा,खासजी सुवातीनी किचकट कागदपत्री प्रक्रियेखातीर कायदेशीर जावपाची अडकुन उरील्ली घरा,तशेंच स्थलांतरीक केल्लया मनशांक सरकारन दिल्ले गाळयाचे हक्क थेट त्या गाळ्यात रावपी मनशांक मालकी हक्क दिवपाची तजवीज म्हजे घर ह्या येवजणेवरवी दिवपाची प्रक्रिया सरकारान केल्या.म्हजे घर येवजणेची प्रक्रिया सुटसुटीत दवरल्या, विकसित भारता सयत, विकसित गोंय आनी happiness index वाडील्ले विकसित आनी समृध्द गोंय करपाच्या हेतान सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यानि म्हणला.**

**ह्यावेळार महसुल खात्याचे सचिव संदिप जॅकीस, जोड सचिव सुरेंद्र नायक, सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्याचे संचालक विजय सक्सेना प्रत्यक्ष हाजीर आशिल्ले.**

**-------------------------------------------------------**

**Desk**

**विद्‍यार्थ्यांचें येस परिक्षेच्या निकालाचेर न्हय तर तांचे कश्ट करपाचे तयारेचेर, वकिली मळार आशिल्ली निश्ठा आनी समर्पणाचेर आदारून आसता अशें**

सरन्यायाधीश भूषण गवई हांणी सांगलें. व्ही.एम. साळगांवकार लॉ कॉलेजींत काल आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार मुंबय उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश आलोक आराधे, न्यायाधीश भारती डांगरे, न्यायाधीश महेश सोनक आनी संस्थेचे अध्यक्ष दत्तराज साळगांवकार हाजीर आशिल्ले. मेरिट लिस्टांतले गूण तुमचें येस थारयना तर तुमी कितले कश्ट करतात, कितले बरें काम करतात आनी त्या- त्या थारावीक मळार कितले बांदिल आसात हाचेर तुमचें येस थारता अशें तांणी सांगलें.

---

Tawadkar

चावडी काणकोणच्या श्री बलराम चेरीटेबल ट्रस्टावतीन चालीक लायील्ल्या श्रमधाम उपक्रमावरवी ३० गरजू मनशांक चवथीपयली स्वतचो हक्काचो निवारो दिवपाची कार्यावळ काल पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकार सभाघरात जाली.ह्या कार्यावळी वेळार 30 गरजु लाबार्थ्यांक श्रमधाम उपक्रमावरवी बांदुन तयार आशील्ली ह्या 30 घरांच्यो चावयो दील्यो.

श्रमधाम हो उपक्रम गांवचे गांवपण मनीसपणाच्या बळग्यार साकारलेलो संकल्प अशे मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणला.

-----------------------------------------------------------

DIP

कार्यकारी अभियंता, बांधकाम विभाग -७ (राष्ट्रीय महामार्ग) सार्वजनिक बांधकाम खाते, पणजी आणि पत्रादेवी ते आगसी दरम्यान राष्ट्रीय महामार्ग-६६ , च्या प्रशासकानी २४ ऑगस्ट २०२५ ते ३१ जानेवारी २०२६ मेरेन विद्यमान राष्ट्रीय महामार्ग-६६ च्या डाव्या बाजूच्या मुख्य कॅरेज व्हेच्या पयल्या टप्प्याटलो पी ५५ (ओ कोकेरो जंक्शन) ते पी ७० (मॉल डी गोवा) मेरेनचो मार्ग सगळ्या प्रकारच्या वाहतुकी खातीर बंद करपाचे आदेश दिल्यात.

-----------------------------------------------------------

Weather

शेनवारा गोंयांत कडकडीत वत पडिल्लें. कांय कडेन पावस शिडशिडल्ल्याची नोंद जाल्या. आज आनी फाल्या गोंयांत किरकोळ पावसाची शक्यताय उक्तायल्या.गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 30 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 degrees celcius इतले आसतले.

-----------------------------------------------------------

**Sports**

**डॉ. के ब हेडगेवार हायस्कुलाच्या पंगडान कुर्टी फोंडेंच्या कामाक्षी शिक्षण संस्थेच्या केईएस उच्च माध्यमीक विद्यालया वतीन आयोजीत केल्ली आंतर शालेय फोंडें तालुका पांवड्या वयली सांघीक बुद्दीबळ सर्त जिखली.**

---------------------------------------------------------